**कदंब म्हामंडळाच्या कर्मचार्यांखातीर जागरूकताय आनी संवेदनशीलताय कार्यक्रम जालो**

**ता. ३१ मार्च २०२२**

दिव्यांग व्यक्तींच्या नेमान संपर्कात येवपी कदंब येरादारी म्हामंडळाचे चालक, वाहक आनी हेर कर्मचाऱ्यांखातीर जागरूकताय आनी संवेदनशीलताय कार्यक्रम जालो. राज्य दिव्यांग व्यक्तीं आयुक्तांचे कार्यालय आनी समाज कल्याण संचालनालय हांच्या जोड पालवान संजय स्कुल, पर्वरी हांगा आयोजीत कार्यक्रमाचे उक्तावण समाज कल्याण सचीव श्री अरुणकुमार मिश्रा हांच्या हस्तुकीं जालें.

कदंब येरादारी म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री दीपक नाईक; राज्य दिव्यांग व्यक्तीं आयुक्त श्री गुरुप्रसाद पावसकर; केटीसीचे वेवस्थापकीय संचालक श्री डेरिक नेटो; गोंय दिव्यांग हक्क संघटनेचे अध्यक्ष, श्री एव्हेलिनो डिसा; समाज कल्याण खात्याचे उपसंचालक श्री ताहा हजिक; दिव्यांग राज्य सल्लागार मंडळाचे वांगडी श्री प्रकाश कामत आनी आदले राज्य दिव्यांग आयुक्त श्रीमती अनुराधा जोशी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ल्यो.

ह्या वेळार उलयताना श्री.अरुणकुमार मिश्रा म्हणले, दिव्यांग व्यक्तींक सहानुभूती दाखोवपा खातीर आमी सेवा करपाक फावना, जाल्यार ती समाजाची जबाबदारी म्हूण तांची सेवा करपाक जाय. दिव्यांग व्यक्तींची भावना आनी नागरी जाणीवेच्या बाबतीत गोंय हेर राज्यांच्या तुलनेत खूप फुडें आसा. दिव्यांग व्यक्तींची सेवा केल्यार स्वतःमदलो प्रेरणा पांवडो वाडटा, अशें तांणी म्हणले.

केटीसीचे अध्यक्ष श्री दीपक नाईक हांणी म्हामंडळाची प्रतिमा ड्रायव्हर आनी कंडक्टरांचेर निंबून आशिल्ल्याचे सांगून दिव्यांग व्यक्ती आनी हेर सगळ्यां प्रवाशांची आदरपूर्वक सेवा करपाचो उलो मारलो.

केटीसीचे वेवस्थापकीय संचालक श्री डेरिक नेटो हांणी म्हामंडळावतीन दिव्यांग व्यक्तींक दिवपात येवपी सुविधांची म्हायती दिली. ह्या वेळार श्री ॲव्हेलिनो डिसा हांचेय भाशण जाले. श्री गुरुप्रसाद पावसकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री ताहा हजिक हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/214

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji